# पेडणे मतदारसंघात 3.11 कोटी खर्चाच्या विकास कामांची सुरवात

ता. 17 फेब्रुवारी 2020

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी काल पेडणे मतदारसंघात 3.11 कोटी खर्चाच्या वेगवेगळ्या विकास कामांची सुरवात केली. नानाचे पाणी ते शेमेचे आडवण मेरेनच्या 500 मिटर रस्त्याचे बांदकाम, कमलेश्वर देवस्थान ते देऊळवाडा कोरगांव मेरेन 300 मिटर रस्त्याचे बांदकाम, राजवेलवाडा तोर्से हांगा 30 मिटर राखणे वणटीचे बांदकाम, हेदुस इब्राम्पूर वाठारांत 500 मिटर रस्त्याचे बांदकाम आनी तांबोशे गांवात वेगवेगळे कडेन फुटपाथ बांदकामाचो तातूंत आसपाव आसा.

नानाचे पाणी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी पेडणे मतदारसंघाच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर सरकारान मतदारसंघात वेगवेगळ्या विकास प्रकल्पांची कामां सुरू केल्ल्याचे सांगून रस्त्यांची सुदारणा, उदका पुरवण, वीज पुरवण आनी हेर सुविधां उपलब्ध करून लोकांचे जीवनमान सुदारपाचे सरकाराचे प्रयत्न आसात. मोपा विमानतळ, रविंद्र भवन, आयुष हॉस्पिटल, क्रिकेट स्टेडियम ह्या सारख्या प्रकल्पांक लागून तालुक्याचो विकास जावपा वांगडाच सुशिक्षित तरणाट्यां खातीर रोजगारांच्योय संदी उपलब्ध जातल्यो, अशें उपमुख्यमंत्र्यान म्हणले.

लोकांनी आपल्या भागाच्या विकासा खातीर सकारात्मक भुमिका घेवन सरकाराक सहकार्य दिवपाचीय मागणी तांणी केली.

कोरगांवच्यो सरपंच श्रीमती स्वाती गवंडी, उपसरपंच श्री. समिर भाटलेकर, नागझरचे सरपंच श्री. प्रदीप पाडलोस्कर, तोर्सेचे सरपंच श्री. अशोक सावळ, उपसरपंच श्रीमती सुंदरी नाईक आनी हेर पंच वांगडी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/146

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA